Aakashvani Panaji National Bulletin

8.40 am 20th October 2025

DIWALI 95

दिवाळींचो उत्सव आयज देशभर  उमेदीन आनी भक्ती भावना  मनयतात. बर्याचे वायटाचेर जैत मेळोवन दिवपी हो उत्सव घरां, देवळां आनी हेर भौशीक सुवाती उजवाडावन मनयतात. हे निमतान लोक देवी  लक्ष्मीची पुजा करतात. वेगवेगळ्या शारा आनी गांव  रंगीत दिवे आनी फुलांनी सजयल्यात. राष्ट्रीय राजधानी दिल्लींत दिवाळेच्या उत्सवा खातीर स्वदेशी वस्तू  घेवपाक वेगवेगळ्या बाजारांत व्हड प्रमाणांत लोकांची गर्दी दिसता. सणाच्या हंगामाक लागून  दिल्ली पुलिसांनी शारभर सुरक्षेची विस्तारान वेवस्था केल्या. दिवाळेच्या हंगामा वेळार जखमी जाल्ल्या दुर्येतींक दिल्लींतली मुखेल हॉस्पिटलां पुरायपणान तयार दवरल्या .  दिल्लीच्या  उजो पालोवपी दळान  संबंदीत घडणुकांक तोंड दिवपा खातीर  41 सुवाती वळखून घेतल्या.

Wishes 167

राष्ट्रपति  द्रौपदी मुर्मू आनी उपराष्ट्रपती  सी पी राधाकृष्णन हांणी दिवाळेच्या निमतान राष्ट्राक परबीं भेटयल्यात . दिवाळी हो भारतांतलो एक लोकप्रिय उत्सव, आनी तो व्हड उमेदीन आनी भक्तीभावान  मनयतात

अशें राष्ट्रपति  मुर्मू हांणी आपल्या संदेशांत सांगलें. हो सण काळखाचेर उजवाडाचो, अज्ञानाचेर गिन्यानाचो आनी वायटाचेर बऱ्याचो जैत मेळोवपाचें प्रतीक अशें तणी  सांगलें.  हो  उत्सव आत्मचिंतन आनी आत्मसुदारणेचो प्रसंग आसून तातूंतल्यान परस्पर मोगाचो आनी भावपणाचे संदेश मेळटा. सुरक्षीतपणान, जबाबदारपणान आनी पर्यावरणाक अनुकूल पद्दतीन दिवाळी मनोवची  असो  उलो तणी  मारला. ही दिवाळी सगळ्यांक सुख, शांती, समृध्दी हाडची अशी मागणी  राष्ट्रपति द्रौपदी  मुर्मू  हाणी केली . प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दिवाळेच्या निमतान देशांतल्या लोकांक परबी भेटयल्या . प्रधानमंत्री मोदी हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, उजवाडाचो हो उत्सव दरेका नागरिकाच्या जिविताक , सुखान, समृध्दीन भरभराट करचो  अशी मागणी तणी केल्या . राष्ट्रा भोंवतणी सकारात्मकतायेची भावना प्रबल जावची शिय  प्रधानमंत्र्यान प्रार्थना केल्या .उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन हाणी , दिवाळी हो सण  वायटाचेर बरें आनी अज्ञानाचेर गिन्यानाचो जैत मनोवपाचो प्रतीक आसा अशे म्हणले . सगळ्यांक    शांती, समृध्दी, बरी भलायकी लाभू अशी  प्रार्थना तणी केल्या .

PM DIWALI 107

भारतीय उत्पादनां विकतीं घेवन 140 कोटी भारतीयांच्या कश्टाची, सृजनशीलताय आनी नवनिर्माणाचो  हो सण सगल्या नागरिकांक मनोवपाचो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मारला . MyGovIndia च्या सोशल मिडिया

पोस्टाक जाप दितना प्रधानमंत्रीन भारतीय उत्पादनां विकतीं घेवपाचेर भर दिलो . तशेंच लोकांनी विकतें घेतिल्लें सोशल मिडियाचेर घालपाचे तांणी सांगला . अशे तरेन लोक हेरांकय तशें करपाची प्रेरणा दितले अशें तांणी सांगलें. सोशल मिडिया MyGovIndia पोस्टांत , हे दिवाळे लोकांनी फकत स्वदेशी उत्पादनां विकतीं घेवपाचें उतर घेवचें आनी देशांतल्या थळाव्या कारागिरांक आदार दिवचो अशे पाणी मुखार म्हणाला . प्रधानमंत्री राष्ट्राक व्हॉकल फॉर लोकल जावपाची प्रेरणा दिता. तशेंच नागरिकांनी आपली सेल्फी आपल्या स्वदेशी खरेदी वा ताच्या निर्मात्या वांगडा घेवची अशेंय सांगलां.

CNRT 40

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोंकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

BRAZIL INDIA 120

दोनूय राश्ट्रां मदीं राजकी, अर्थीक आनी तंत्रीक सहकार्याक चालना दिवपाचो हेतू आशिल्लो आनी भारता कडेन रणनिती आघाडी करपाचा येवजणीचे ब्राझीलाचे राष्ट्राध्यक्ष लुईस इनासिओ लुला दा सिल्वा हाणी जाहीर केला . उपराष्ट्रपती जेराल्डो आल्कमिन हांची हालींच भारत भेट जातकच लुला हाणी नवी दिल्ली कडेन

द्विपक्षीय संबंद घटमूट करपाचेर भर दिलो. भारताच्या अपवादात्मक बाजारपेठेक लागुन फुडल्या वर्साचे सुरवेक उपराष्ट्रपती जेराल्डो आल्कमिनाची भारत भेट खूब म्हत्वाची अशें लुला हाणी सोशल मिडियाचेर पोस्ट करून सांगलें. भारता कडेन रणनिती आघाडी तयार करतले आनी ब्राझील आनी भारतीय दोनूय अर्थवेवस्थेची उदरगत करतले अशे तांणी मुखार म्हणला . उपराष्ट्रपती जेराल्दो आल्कमिन हांच्या भारत भेटीच्या एका दीसा उपरांत ब्राझीलाच्या अध्यक्षानी ही गजाल सांगिल्ली. भारत भेटी वेळार आल्कमिन हाणी भारत आनी ब्राझीलाचो सहकार पूरक आसा आनी स्पर्धात्मक ना अशें स्पश्ट केलें.

Haryana 93

हरियाणाचे मुखेलमंत्री नायब सिंग सैनी हांणी ऊंसाचे दर क्विंटलाक 15 रुपया वाडोवपाची घोशणा केल्या. सुरवेच्या ऊंसाच्या जातींचो दर 400 रुपया वयल्यान दर क्विंटलाक 415 रुपया मेरेन वाडयला. उशीराच्या जातींचो दर 393 रुपया वयल्यान दर क्विंटलाक 408 रुपया मेरेन वाडयला. शेतकार, वंचित लोक , तरणाटे आनी बायलां हांचे कल्याण आनी समग्र उदरगती खातीर आपलें सरकार कटिबद्ध आसा अशें मंत्री सैनी हांणी सांगलें. आयज हरियाणांतलीं सगळीं पिकां उण्यांत उण्या आदार दरान खरेदी करतात अशे सांगले . फाटल्या 11 पिकाच्या हंगामांत 1 लाख 54 हजार कोटी रुपयांची रक्कम थेट 12 लाख शेतकारांच्या बँक खात्यांत हस्तांतरीत जाल्या.

ASHWINI 132

दिवाळी आनी छठ पूजेच्या फाटभुयेर प्रवाशांचे वेवस्थेचो आढावो घेवपा खातीर काल रातीं उसरां रेल्वे अधिकाऱ्यां सयत रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आनंद विहार रेल्वे स्टेशनाकी भेट दिली. ह्या भेटी वेळार प्रवाशां कडेनय संवाद सादलो आनी हे वेवस्थे विशीं तांचो प्रतिसाद घेतलो. ह्या वेळार दिल्ली स्टेशनांर व्हड प्रमाणांत प्रवासी येतात आनी तांच्या सोयी खातीर रेल्वेन व्हड प्रमाणांत वेवस्था केल्या अशें मंत्री वैष्णव हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलां. होल्डिंग एरिया आनी व्हड प्रमाणांत तिकीट काउंटरांक लागून तांचे प्रवास सोंपें जालां अशें तांणी मुखार सांगलें. रेल्वे मंत्रालयान मुंबय, पुणे, सूरत, बेंगळुरू, सिकंदराबाद ह्या हेर स्टेशनांचेर अशीच सुविधा केल्यात. मंत्री वैष्णव हांणी, रेल्वे विशी सोशल मिडियाचेर बनावट व्हिडियो प्रसारीत करपी लोकां आड खर कारवाय सुरू किल्ल्याचे सांगले . हाका लागून प्रवाशां मदीं बोवाळ निर्माण जाता म्हणून फट व्हिडियो प्रसारीत करचे न्हय अशें आवाहन तांणी केला.

BIHAR 53

बिहारांत दुसरे पांवड्याचे विधानसभा वेंचणुके खातीर उमेदवारी दाखल करपाची प्रक्रिया आयज सोंपतली. वट्ट 243 सुवाती मदीं 11 नोव्हेंबराक ह्या पांवड्यार 122 मतदार वेंचणुकेक जातले . विधानसभा वेंचणुकेच्या पयल्या पांवड्या खातीर उमेदवारी फाटीं घेवपाचीय आयज निमाणी तारीक. 18 जिल्ह्यांनी पातळिल्ले 121 मतदारसंघ 6 नोव्हेंबराक पयल्या पांवड्यार वेंचणूक लढयतले. 14 नोव्हेंबराक मतांची मेजणी सुरू जातली.

Gst healthcare 153

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी जाहीर केल्ल्या आनी फाटल्या म्हयन्याच्या 22 तारखेक सुरू केल्ल्या जीएसटी बचत उत्सवाचो समाजांतल्या सगळ्या वर्गांतल्या लोकांक फायदो जावपाक लागला. फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणांक लागून नागरिकांक म्हत्वाची सुटका मेळ्ळ्या आनी वखदां आनी हेर वैजकी संबंदीत उत्पादनां चड परवडपी करून देशांतल्या भलायकी क्षेत्रांत बळगें मेळ्ळां. कॅन्सर आनी खर दीर्घकालीन दुयेंसांचेर उपचार करपा खातीर वापरिल्ल्या 36 जिवीत वाचवपी वखदांचेर कर दर पयलींच्या 12 टक्क्यां वयल्यान सुटका  दिल्या. वखदां आनी वैजकी उपकरणांचेर नव्या जीएसटी दरांक लागून सुदारणा जावपाक लागल्या आनी ह्या क्षेत्रांतल्या देशी उत्पादनाक आदार मेळटा. ह्या सगळ्या वरवीं भलायकी क्षेत्र लोकांचें जिवीत सोंपें आनी उपचार सवाय करपाक लागलां.

IMD  63

भारतीय  हवामान खात्यान आयज केरळ आनी माहेच्या कांय वाठारांनी उटानगराचो  पावस पडपाचो अदमास उक्तायला  .  अंडमान  आनी  निकोबार  जुंवे, आंध्र  प्रदेश, दक्षिण    कर्नाटक, लक्षद्वीप, तमिळनाडू, पुडुचेरी  आनी

कराईकल ह्या सुवार्तींनीय फुडल्या 2-3 दिसांत हलको ते चड पावस पडपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यानं आयज ओडिशा, दक्षिण कर्नाटक, ह्या वाठारांनी गडगड आनी वीज पडपाची शक्यताय आसा अशे उक्तायला

Sports 23

2025 वर्साच्या आशियाई युव खेळांत भारताच्या 15 वर्सां पिरायेच्या खुशीन बहरीनांत देशा खातीर पदकांची संख्या सुरू केली आनी काल कुराशांत कांस्य पदक जिखलें